# <u>प्रधानमंत्र्यांच्या गोंय भेटीच्या फाटभुंयेर येरादारीची वेवस्था</u>

ता. 18 डिसेंबर 2021

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या गोंय भेटीच्या फाटभुंयेर येरादारी विभागान ता.19 डिसेंबर 2021 दिसा सकयले प्रमाण येरादारीची आनी पार्किंग वेवस्था केल्या.

दयानंद बांदोडकर पुतळो ते मिरामार, डॉ. जॅक सिक्वेरा रस्तो मिरामार ते एनआयओ सर्कल आनी गोंय विद्यापीठ रस्तो एनआयओ सर्कल ते ईटीडीसी मेरेन बंद आसतलो.

त्याचप्रमाण मिरामार बिच्यावटेन वचपी बसी आनी वाहनांक पार्किंगाची वेवस्था कांपाल परेड मैदान, धेंपे कॉलेज आनी व्ही. एम. साळगांवकर कायदो कॉलेजी कडेन आसतली आनी डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमा वटेन वचपी वाहनांक ईटीडीसी सामकारच्या उकत्या जागेत आनी गोंय विद्यापीठ निवासी क्वॉटर्स लेन आनी ज्युबीली हॉला लागी पार्किंग आसतले.

बसी जीएमसी ते गोंय विद्यापीठ रस्तो आनी हेर वाहनां ( 1.30 वरांमेरेन ) दयानंद बांदोडकर मार्गान आनी त्या उपारांत जीएमसी ते गोंय विद्यापीठ रस्त्यान वचपाक शकतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1059

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji